वि. वि. म.

## रामकृष्ण म्हादेव साळगांवकर उच्च माध्यमिक विद्यालय

कोंब, मडगांव- गोंय

SECOND MID TERM EXAM JANUARY 2023

यत्ता: ११वी
विशय: कोंकणी
वेळ: १ वर

तारीख: १८/०१/२०२३
गूण: २०

---

सुचोवण्यो: १. दरेका प्रस्नाची जाप नव्या पानार सुरू करची.
२. प्रस्न आनी उप प्रस्नाचे आंकडे स्पश्ट बरोवचे.
३. सगळे प्रस्न सक्तीचे आसात.
४. उजवे वटेन बरयिल्ले आंकडे प्रस्नाचे पूर्ण गूण दाखयतात.

---

प्र.१.क. सकयल दिल्ल्या खंयच्याय एका विधानांचें संदर्भासयत स्पश्टीकरण करात : (०४)

अ. थोडीशी अडचण सोंसून मनीसपण दाखयल्यार ताची कदर जाता.

आ. कोंकणी मनशाच्या जिवीतांतलें आनी जेवणांतलें नुस्तें ताचे भाशेंतूय पावला कणकणीं पावलां.

ख. सकयल दिल्ल्या खंयच्याय एका प्रस्नाची जाप सुमार आठ ते धा उतरांनी बरयात : (०१)

अ. रेल्वेचो प्रवास चड अणभवसंपन्न आसता अशें लेखक कित्याक म्हणटा ?

आ. म्हणीची व्याख्या बरयात.

प्र.२.क. सकयल दिल्ल्या खंयच्याय एका प्रस्नाची जाप सुमार ४०-४५ उतरांनी बरयात : (०३)

अ. दिगंतरांतल्या मोराक कवी कितें सांगता ?

आ. 'व्हडवीक' कवितेंत उक्तायल्लो गोंयची मोग तुमच्या उतरांनी बरयात .

प्र.३.क. सकयल दिल्ल्या वाक्यांनी आडी मारिल्ल्या उतरांच्या जाग्यार कंवसांत दिल्ल्या योग्य त्या वाक्प्रचारांचो वापर करून विधाना परतून बरयात : (०२)

(अती तुस्त करप, मोटेपण येवप, यादींत उरप, जिवाक सुस्त जावप)

अ. रेल्वे प्रवासांत एका मनशाची उतरां म्हज्या मनांत घोंटेर करून उरली.

आ. रमेश कोणाकच चण्या झाडार चडयता.

ख. सकयल दिल्ली खंयचीय तीन वाक्यां कंवसांत सुचयल्ले प्रमाण बदलून परतून बरयात. (०३)

अ. बसींन सगळें सीट भरिल्ले आसले. (अर्थ बदलिनासतना न्हयकारी करात.)

आ. हांवे ताचेर बरेंच फुलयलें. (भविश्यकाळ करात.)

इ. ताच्या काळजांत (मनीसपण) उणाव जावपाक लागता. (कंवसांत दिल्ल्या उतराक फावो तो विभक्ती प्रत्यय लायात.)

ई. तुमी तांचे सोयीप्रमाण सीट लकयशात ? (आज्ञार्थी करात.)

ग. सकयल दिल्ल्या खंयच्याय तीन ओपारींचे अर्थ बरयात. (०३)

अ. भटाक दिली वसरी, भट हातपांय पसरी -

आ. चोराच्या मनांत चान्ने -

इ. देव तारीत ताका कोण मारीत ? -

ई. आज म्हाका फाल्यां तुका -

प्र.४. ग्रीन रोझरी उच्च माध्यमिक विद्यालय, दोनापावला-पणजी, आयोजीत केल्ल्या इनामां वांटप सुवाळ्याची आमंत्रणपत्रिका / आपोवणें तयार करात. (०४)

*****************************